**विकसित भारताखातीर सीएची भूमिका म्हत्वाची- पंचायत मंत्री**

ता. 24 ऑगस्ट 2021

इन्स्टिटट्यूट ऑफ चार्टर्ड अकाउंटंट ऑफ इंडिया (आयसीएआय) च्या वेस्टर्न इंडिया रिजनल कौन्सिल (डब्ल्यूआयआरसी) च्या गोंय शाखेन पणजे विवांता ताज हांगा आपल्या उपप्रादेशिक परिषदेचे आयोजन केला.

परिषदेच्या उक्तावण कार्यक्रमात उलयताना येरादारी आनी पंचायत मंत्री श्री माविन गुदिन्हो हांणी राष्ट्राच्या बांदावळीत चार्टर्ड अकाउंटंटची भूमिका म्हत्वाची आशिल्ल्याचे सांगून वस्तूं आनी सेवा कर कायद्यातल्या एक राष्ट्र, एक कर तरतुदीक लागून देशाच्या विकासाक मदत जाल्या आनी ह्या विकासात चार्टर्ड अकाउंटंट्सी म्हत्त्वाची भूमिका आसा. गोंयांत पंचायतींनी हे आदीच वाड आधारित डबल एंट्री अकाउंटिंग सिस्टीमची अंमलबजावणी सुरू केल्ली आसून भारतीय चार्टर्ड अकाउंटंट्स इन्स्टिटट्यूटच्या मार्गदर्शनाखाला गोंयचे सीए हांतूत म्हत्वाची भूमिका बजावपाची अपेक्षा आसा, अशें तांणी म्हणले. तांणी आयसीएआयच्या सदस्यांक आपल्या सेवेत आनीक वाड करपाचो उलो मारलो, जेणेकरून भारत बेगीन एक विकसित देश जातलो.

चार्टर्ड अकाउंटंट गोंय शाखेचे अध्यक्ष श्री प्रदिप काकोडकर हांणी उपस्थितांक येवकार दिलो. अध्यक्ष आयसीएआयच्या प्रत्यक्ष कर समितीचे अध्यक्ष आनी केंद्रीय परिषद सदस्य श्री चंद्रशेखर व्ही. चितळे, अभ्यास मंडळाचे आदले उपाध्यक्ष श्री मंगेश किनारे, श्री मनीष गडिया, श्रीमती द्रुष्टी देसाय, सचिव श्री अर्पित काबरा, भांडारी श्री जयेश आनी गोंय शाखेचे यशवंत कासार ह्या वेळार उपस्थित आशिल्ले.

गोंय शाखेचे सचिव श्री मिलिंद शिरोडकर हांणी उपकार मानले. ह्या वेळार ज्येश्ठ आनी नवीन चार्टर्ड अकाउंटंट्सचो सत्कार जालो.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/723

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji